आकाशवाणी पणजी
प्रादेशिक खबरा

Date :01/10/2025 7.20 pm

मुखेल खबरो

- राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू आनी मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी
- हांणी दसऱ्याच्या शुभप्रसंगार गोंयच्या लोकांक उर्बेभरीत परबीं भेटयल्यात.
- राज्य पांवड्यावयली गांधी जयंतीची कार्यावळ फाल्या ता. 2 ऑक्टोबराक सकाळी 8.00 वरांचेर गांधी चौक, पोरणे गोंय हांगा मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे हाजिरेत जातली.
- येष्ठ नागरिकांचे जिवीत आनंदीत उरचे खातीर तरणाट्या पिळगेन आपले कर्तव्य मानून ज्येष्ठ नागरिकांक फावो तो आदार दिवपाक जाय अशें मत भाौशीक बांदकाम खात्याचे मंत्री दिगंबर कामत हांणी मांडले.
- गोंयात २८ हॅक्टर सुवातीत रोजांच्य पफुलाची लागवड जाता अशी म्हायती शेतकी खात्याचे संचालक संदिप फळदेसाय हांणी दिल्या

राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी दसऱ्याच्या शुभप्रसंगार गोंयच्या लोकांक उर्बेभरीत परबीं भेटयल्यात. राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, दसरो, जाका आमी विजयादशमी अशेंय म्हणटात. दसरो हो सद्‌गुणांनी वायट प्रवृत्तीचेर, सत्यान असत्याचेर आनी गिन्यानान अज्ञानाचेर मेळयिल्ल्या जैताचो उत्सव आसा. भगवान श्रीरामान रावणाचेर आनी देवी दुर्गा मातेन महिसासूर नावाच्या राक्षसाचेर मेळयिल्ल्या जैताचे प्रतिक म्हूण हो उत्सव मनयतात, जे भितरल्या आनी भायल्या संघर्शाची शक्तीशाली निशाणी आसा, जाका जीणेत आमी सगळें तोंड दितात. हो उत्सव आमकां उगडास करून दिता, की नकारात्मक शक्ती कितली ताकदवान आसा हाची परवा ना, धाडस, सत्य आनी एकजूटीन अशां शक्तींचेर सदाच जैत मेळोवप शक्य आसा. हो उत्सव आमकां कर्तव्य पालन, दयाळूपण आनी आमच्या दिसपट्टे कृतींनी प्रामाणिकपणान जगपाक प्रेरणा दिता अशें राज्यपाल म्हणटा.

मजगती मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दसऱ्या निमतान गोंयच्या लोकांक उर्बेभरीत परबीं भेटयल्यात. मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात म्हणटा, दसऱ्याच्या शुभ प्रसंगार तुमच्यो सगळयो चिंता पयस जावच्यो आनी तुमची जीण खुशालभरीत, भरभराटीची आनी तुमच्या अपेक्षांच्या पुर्ततायेन भरून जावची . दसऱ्याचो उत्सव देशात व्हडा उमेदीन आनी धार्मिक भावनेन मनोवपात येता. दसरो हो सद्‌गुणांनी वायट प्रवृत्तीचेर मेळयिल्ल्या ईश्वरी जैताचे प्रतिक आसा. प्रधानमंत्री श्री नरेंद्र मोदी हांच्या विकसित भारत 2047 च्या दिश्टीकोना कडेन सुसंगत रावन आमी “स्वयंपूर्ण गोंय” चे उद्दीश्ट पुराय करून गोंयची भरभराट करूया . दसऱ्याचो उत्सव आमी एकजूट, खुशालकाय आनी नव्या आशेन मनोवया. दसऱ्याचो सण दर एकल्याच्या जीणेत शांतीकाय, खुशालकाय आनी भरभराट घेवन येवची अशें मुख्यमंत्रांनी म्हणला .

रोजांच्या फुलांबाबीन गोंय आता स्वंयपुर्ण जाला. एका तेपार सणांखातीर लागपी रोजाची फुलां गोंयांक हेर राज्यातल्यान येतांली, मात आता रोजाच्या पुलांचे पीक घेवपाक गोंयचे शेतकार येसस्वी जाल्यात. गोंयात २८ हॅक्टर सुवातीत रोजांच्य फुलाची लागवड जाता अशी म्हायती शेतकी खात्याचे संचालक संदिप फळदेसाय हांणी दिल्या. गोंयांत हळदुळे आनी केशरी रंगांच्या फुलाचे पीक सुमार ३८० शेतकार घेतात अशी म्हायती तांणी दिल्या. स्वयंपूर्ण गोंयच्या उपक्रमांतल्यान शेतकारांक केंद्र आनी राज्या कडल्यान दर हेक्टराक ₹75 हजार रुपया अनुदान मेळटा. ह्या हंगामांत 280 मेट्रीक टन उत्पन्न मेळटलें अशे फळदेसाय हांणी म्हणला. दसऱ्याच्या सणक गोंयांत रोयिल्ली रोजांची फुला आता गोंयकारांखातीर उपलब्ध आसात अशी म्हायती तांणी दिल्या .

मजगती ओंकार नांवाच्या हत्तीन पेरडणे म्हालातल्या तीन गांवांनी शेतकी पिकावलीचे लुकसाण केलां आनी ताचो परिणाम सुमार 30 शेतकारांक जाला. सध्या ह्या बाधित शेतकारांक लुकसाण भरपाय दिवपा खातीर मूल्यमापन सुरू आसा अशें कृशी संचालक संदीप फळ देसाय हांणी सांगला. समाजाची बुन्याद ज्येश्ठ नागरीक घालतात. देखून ह्या ज्येष्ठ नागरिकांचे जिवीत आनंदीत उरचे हे खातीर तरणाट्या पिळगेन आपले ते कर्तव्य मानून ज्येष्ठ नागरिकांक फावो तो आदार दिवपाक जाय अशें मत भाैशीक बांदकाम खात्याचे मंत्री दिगंबर कामत हांणी मांडले. मडगावच्या रवींद्र भवनात ज्येष्ठ नागरिक महासंघावतीन अायज संवसारीक ज्येष्ठ नागरिक दिस मनयलो. ह्यावेळार समाजातल्या वेगवेगळया मळार बरे काम केल्ल्या १० ज्येष्ठ नागरिकांचो भौमान जालो. ह्यावेळार फातोर्डेचे अामदार विजय सरदेसाय, रवींद्र भवनचे अध्यक्ष राजेंद्र तालक हाजीर आशिल्ले. ह्यावेळार जाल्ल्या भासाभाशेत ज्येष्ठ नागरिकांच्या पेन्शनात सरकारान वाड करची अशी मागणी केली.

बाळळी-अडणे पंचायतीचे नवे सरपंच म्हूण आयज हर्शद परीट हे वेंचून आयले. तांणी आपले प्रतिस्पर्धी महेंद्र वेळीप हांचेर ५ आड ४ मतांनी जैत जोडले. आदले सरपंच गोविंद फळदेसाय हांणी आपल्या पदाचो राजीनामो दिल्ल्यान हे रिते जाल्ले पद भरुन काडपाखातीर आयज वेंचणूक जाल्ली. इतले मजगती, परीट हे भाजपाचे कार्यकर्ते असो दावाे करुन ही पंचायत आता भाजपाकडेन आयल्या अशें आदले पालवी मुखेलमंत्री बाबु कवळेकार हांणी सांगलें. कवळेकार हांणी नव्यान वेंचून आयिल्ले सरपंच परीट हांच्या गळयात हार घालून तांकां परबीं दिली. कुंकळ्ळेचे आदले आमदार क्लाफास डायस, कुंकळ्ळेचे नगरसेवक विदेश देसाय आनी हेर मानेस्त ह्यावेळार हाजीर आशिल्लें.

फाल्यां दसरो, म्हळयार विजयादशमी. सबंद गोंयभर दसऱ्या निमतान फाल्यां वेगवेगळयो धर्मिक आनी सामाजिक कार्यावळी जातल्यो. वर्सभरातल्या साडेतीन शुभम्हूर्तातलो , दसरो १ म्हूर्त. ह्या म्हूर्तार नवी आस्थापनां सुरु करप , घरप्रवेश , वाहन खरेदी करप वा खंयच्याय नव्या कार्याक सुरवात करप शुभ मानतात आनी म्हूण अश्या स्वरुपाच्यो कार्यावळी लेगीत राज्यभर फाल्यां व्हडा प्रमाणांत जातल्यो.

गोंयचे राज्यपाल श्री. पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी गांधी जयंती निमतान गोंयच्या लोकांक परबीं दिल्या. राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, गांधी जयंतीच्या शुभ प्रसंगार हांव गोंयच्या लोकांक आनी सगळयां भारतीयांक म्हजी उर्बेभरीत परबीं दिता. हो दीस संवसारात आंतरराष्ट्रीय अहिंसा दीस म्हूण पाळटात. आमी राष्ट्रपीता महात्मा गांधी हांकां आर्गां ओपतात, जांची जीण आनी सत्य, शांतीकाय आनी

अहिंसेचो संदेश मानवजातीक सदाच प्रेरणा दिता. ह्या प्रसंगार आमी आमचे विचार आनी कृतींनी अहिंसेचो मार्ग आपणावया, आमच्या सगळयां प्रयत्नांनी सत्याचो मार्ग आपणावया आनी न्याय्य, आसपावीत आनी शांतीकायेन भरिल्लो समाज निर्माण करपा खातीर एकवटान काम करूया अशें ताणी म्हणला .

राज्य पांवड्यावयली राष्ट्रपीता महात्मा गांधी जयंतीची कार्यावळ फाल्या सकाळी 8.00 वरांचेर गांधी चौक, पोरणे गोंय हांगा जातली . गोंय सरकार आनी पोरणे गोंय ग्रामपंचायतीच्या सहकार्यान आयोजीत करपात येवपी कार्यावळीत मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हे महात्मा गांधीजीच्या पुतळयात फुलांहार घालून तांच्या उगडासाक गोंयच्या लोकांवतीन आर्गां ओपतले. केंद्रीय वीज, नवीन आनी नविनीकरण ऊर्जा राज्यमंत्री श्रीपाद नाईक, कुंभारजुवा मतदारसंघाचे आमदार श्री. राजेश फळदेसाय, पोरणे गोंय ग्रामपंचायतीच्यो सरपंच श्रीमती मेधा पर्वतकर, जिल्हा पंचायत वांगडी श्री. सिध्देश नाईक आनी हेर मानेस्त हेवेळार हाजीर रावतले.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला भारत G20 येज्मंकी चालयली हेविशी आमच्या

खबरा विभागान सादर केलो हो खासा रिपोर्ट G २० SUCEESS

केपें म्हालांतलो बाळ्ळी, फातर्पा हो वाठार देवळांनी भरला. हांगचें एक जागृत देवस्थान म्हळयार श्री भुमिपुरुष सप्तकोटेश्वर शांतादुर्गा देवस्थान. सध्या, देवळांत नवरात्रोत्सव व्हडा उमेदीन सुरू आसा. फाल्यां दसऱ्यान हो उत्सव सोंपतलो. असोच दसऱ्याचो उत्सव पर्वत पाड्डे हांगाच्या श्री चंद्रेश्वर भूतनाथ संस्थानातय फाल्या मनयतले. भारतिय हवामान खात्यान फुडल्या तीन दिसात कोंकण आनी गोंयात हकलो ते मध्यम पावस पडपाची शक्यताय उक्तायला . तशेच अरबी दर्याच्या कांय वाठारांनी वारे वराक 45 ते 55 किलो मिटर वेगान व्हावतले देखून नुसते मारानी खोल दऱ्यांत वचचे न्ही अशे खात्यान कळीत केला . गोंय विद्यापीठ 9 ऑक्टोबरक दनपारां 2.30 वरांचेर आपलो फुटबॉल पुरुष पंगड तयार करपा खातीर निवड चांचण्यो घेतले. चांचण्यांक हाजीर रावपाची इत्सक विद्यार्थ्यांनी 2:00 वरांचेर गोंय विद्यापिठाच्या खेळां विभागांत कॉलेजीची वळखपत्र, आधार कार्ड, जल्म प्रमाणपत्र आनी खेळपाची किट घेवोन हाजर रावच अशे विद्यापीठन कळीत केला

आता परतून एक फावट मुखेल खबरो

- राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू आनी मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी
- हांणी दसऱ्याच्या शुभप्रसंगार गोंयच्या लोकांक उर्बेभरीत परबीं भेटयल्यात.
- राज्य पांवड्यावयली गांधी जयंतीची कार्यावळ फाल्या ता. 2 ऑक्टोबराक सकाळी 8.00 वरांचेर गांधी चौक, पोरणे गोंय हांगा मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे हाजिरेत जातली.
- येष्ठ नागरिकांचे जिवीत आनंदीत उरचे खातीर तरणाट्या पिळगेन आपले कर्तव्य मानून ज्येष्ठ नागरिकांक फावो तो आदार दिवपाक जाय अशें मत भाैशीक बांदकाम खात्याचे मंत्री दिगंबर कामत हांणी मांडले.
- गोंयात २८ हॅक्टर सुवातीत रोजांच्य पफुलाची लागवड जाता अशी म्हायती शेतकी खात्याचे संचालक संदिप फळदेसाय हांणी दिल्या